राष्ट्रीय खबरो देवश्री 29.05.2025 @ 6.30 pm

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा

Pm Bengal 70

अस्तंत बंगालांतल्या अलीपुरदुआर परेड मैदानाचेर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शारांतल्या गॅस वितरण प्रकल्पाची बुन्याद घाली. भारताची अर्थवेवस्था गॅस आदारीत अर्थवेवस्थेचे दिकेन मुखार सरता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. घरांनी गॅस सिलिंडराची गरज ना. रांदपाची एलपीजी गॅस वितरण pipelineतल्यान थेट रांदचे कुडींत वितरित करतले . फुडाराक पर्यावरण प्रदुशण उणें जातलें हाचेर प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो.

Pm Sikkim 45

सिक्किम @50 कार्यावळीत उलयताना भारताचे प्रगतींत सिक्किम आनी पुराय ईशान्य एक उजवाडाचो अध्याय म्हूण उदेता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. 2014 वर्सा आमी 'सबका साथ, सबका विकास' हो नारो दिल्लो. भारताक 'विकसित करपा खातीर देशांतल्या दरेका राज्याची आनी प्रदेशाची समतोल पद्दतीन उदरगत करप गरजेचें आसा अशें तांणी सांगलें. (**byte)**

Jaishanar 50

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आंतरराष्ट्रीय संयुक्त राष्ट्र शांती सैनिक दिसानिमित्त जगभरातल्या संयुक्त राष्ट्र शांती मोहिमांत सेवा दिवपी शूर दादले आणि बायलांच्या बलिदानाचो आणि धाडसाचो सन्मान केलो. एका सोशल मीडिया पोस्टात डॉ. जयशंकर हाणी जागतिक शांतता आणि सुरक्षा राखपाक संयुक्त राष्ट्र शांती सैनिकांच्या समर्पणाबद्दल आणि योगदानाबद्दल मनापासून कृतज्ञता व्यक्त केली.

Rajnath 110

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी भारताच्या सुरक्षे खातीर आणि समृद्धी खातीर मेक इन इंडिया महत्त्वाचे आसा हाचेर भर दिला ऑपरेशन सिंदूर वरवी

देशातल्या लोकांनी मेक इन इंडिया मोहिमेचे यश पळयले आणि अणभवले अशे सीआयआय वर्सुकी व्यापार शिखर परिषदेत उलयताना ताणी हे स्पष्ट केले की आता जेन्ना जेन्ना पाकिस्तानाकडे चर्चा जातली तेन्ना तेन्ना ती फक्त दहशतवाद आणि पीओकेचेरच आसतली. पाकिस्तानाक हे समजला की दहशतवादाचो व्यवसाय चलोवप किफायतशीर ना, कारण ताची तांका व्हड किंमत मेजची पडपाक शकता अशे ताणी म्हणले. आज भारत फक्त लढाऊ विमाना वा क्षेपणास्त्र प्रणाली करीना तर नवीन युगातल्या झुज तंत्रज्ञानाखातीर लेगीत सज्ज जाता अशे ते उलयले

Yog 150

११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या फांट भुयेर, नवी दिल्लीत आंतर-मंत्रालयीन समितीची बसका आयोजित केल्ली जातुंत २०२५ च्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या तयारीचेर चर्चा केली आणि त्याची रणनीती आखली. आपल्या उलोवपात, आयुष मंत्री प्रतापराव जाधव हाणी प्रधान मंत्रयांच्या प्रत्येक नागरिका मेरेन योग पावोवपाच्या दृष्टिकोनाक साकार करपाक पुराय सरकारच्या दृष्टिकोनाचे महत्त्व अधोरेखित केले. योग दिस हो फक्त एक उत्सव न्हय तर ती एक चळवळ जी मंत्रालया, संस्था आणि नागरिकांक समग्र भलायकी खातीर सामायिक वचनबद्धतेत एकठाय करता अशे ताणी सांगले. आयुष मंत्रालयाचे सचिव वैद्य राजेश कोटेचा हाणी ही सगळ्यात व्हड जागतिक चळवळींपैकी एक थारल्या अशे म्हणुन जाहीर केले की मंत्रालय यावर्सा योग संगम या प्रमुख कार्यक्रमांतर्गत आनीक व्हड प्रमाणात सहभाग घेवपाचे लक्ष्य दवरता, जातुन २१ जूनाक एकाच वेळार एक लाखा परस अधिक योग कार्यक्रम आयोजित करतले जातुंत, प्रधानमंत्री आंध्र प्रदेशातल्या विशाखापट्टणमात राष्ट्रीय उत्सवाचे फुडारपण करतले

Imd 60

भारतिय हवामान खात्यान आयज ईशान्य राज्यां, दर्यादेग आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल ह्या राज्यांनी काय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडल्या 2-3 दिस आंध्र प्रदेश,

उदेंत मध्य प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीर, लद्दाख, बाल्टीस्तान, मुझफ्फराबाद, पंजाब, राजस्थान, आनी दिल्ली हांगा काय सुवातींनी वीज आनी वादळ वारें येवपाची शक्यताय आसा. आयएमडीन आयज अस्तंत राजस्थानात उश्णतायेचि ल्हारा आनी धुळीच्या वादळाची शक्यताय उक्तायल्या

Ipl 35

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत प्लेऑफाची सुरवात आयज जातली. गुणतालिकेत पयल्या स्थानार आशिल्लो पंगड पंजाब किंग्स आयज सांजवेळार मुल्लनपूरांत जावपी पयल्या क्वालिफायर मॅचिंत दुसरे क्रमांकार आशिल्ल्या रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा आड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो खेळ सुरू जातलो

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो खबरो आयकात सकाळच्या 8.40 मिनिटांचेर. नमस्कार